भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजू आनी लाजार



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

मारिया आनी मार्ता हांकां हुस्को जालो. तांचो भाव लाजार दुयेंत आशिल्लो – खूब दुयेंत आशिल्लो. लाजाराक बेगीन मरण येवंक शकता हें भयणींक खबर आशिल्लें. तांणी जेजूक आपोवन हाडलो. बेथानीच्या ह्या ल्हान कुटमाचो ताका मोग आशिल्लो.



जेजून लाजाराची खबर आयकली तेन्ना ताणें आपल्या शिसांक सांगलें, “हें दुयेंस मरणांत सोंपचें ना.” जेजू जायते मैल पयस आसलो तरी लाजाराक कितें घडटलें तें ताका सारकें खबर आशिल्लें.



जेजून बेथानीक वचचे पयलीं दोन दीस वाट पळयली. मागीर ताणें एक गजाल सांगली जी ताच्या शिश्यांक घुस्पागोंदळ घाली. “लाजार मेलो. हांव थंय नाशिल्लो म्हूण खोशी जाला कारण तुमकां विस्वास येवपाक.” ह्या विचित्र उतरांचो अर्थ कितें आशिल्लो? जेजू कितें करपाची येवजण करतालो?




जेजू बेथानीक
पावलो तेन्ना लाजार
मरुन चार दीस जाल्ले.
थडग्याच्या कपड्यांत
गुठलायल्ली ताची कूड
गुफासारक्या
थडग्यांत
आशिल्ली.

मार्ता जेजूक मेळपाक गेली. “तुजो भाव परतून जिवंत जातलो” जेजून म्हणलें. “म्हाका खबर आसा – निमाण्या दिसा पुनर जीवनात” मार्तान जाप दिली. लाजाराक परत पळोवपाक काळ सोंपसर वाट पळोवची पडटली अशें तिका दिसलें. पूण जेजूचो अर्थ वेगळोच आशिल्लो.



“हांव पुनर जीवनपण आनी जिवीत”



जेजून मार्ताक सांगलें. “जो म्हजेर विस्वास दवरता तो मेलो तरी जियेतलो.” मार्तान जेजूचेर विस्वास दवरलो. तो देवाचो पूत अशें तिका खबर आशिल्लें. पूण तो लाजाराक कसो आदार दिवंक शकतालो?

लाजार मेलो म्हणून सगळ्यांक दुख्ख जालें. ताची भयण मरियम रडटाली. तशेंच तिका सांत्वन दिवपाचो यतन करपी तिचे इश्टय आशिल्ले. जेजूय रडलो.



जेजू लोकांवांगडा
थडग्यांत गेलो. दारार एक
व्हडलो फातर आशिल्लो.



“फातर काड” जेजून आदन्या केली.
“प्रभु” मार्तान जाप दिली, “ह्या
वेळार दुर्गंधी आयल्या,
कारण तो मेल्ल्यार चार
दीस जाले.”




जेजूच्या आदन्या प्रमाण
त्या मनशांनी तो फातर
काडलो. मागीर जेजून
आपल्या सर्गींच्या बापायक
मागणें केलें. जेजू इतलो
व्हडलो चमत्कार करपाचो
आशिल्लो की लोकांक
कळटलें की
देवान ताका
धाडला.


“लाजारस!” जेजून
मोठ्या आवाजान म्हळे.
“भायर ये!” लोक अजापीत
जावन गूफा कडेन पळयत
आशिल्ले आसूंक जाय. जेजून
मेल्ल्या मनशाक जियेवंक
शकता?


हय!
लाजार
गूफांतल्यान
भायर सरलो,
सगळे
थडग्याच्या
कपड्यांत
गुठलायल्ले – जिवो!


जेजून म्हणलें. “ताका सोडून वचूंक दिवचो.”
कितलो आनंद आशिल्लो! दुकां हांसपांत
रुपांतरीत जालीं. जेजून आपलें
उतर पाळ्ळें. लाजार परतून जिवो
जालो. फकत देवाचो पूत मेल्ल्या
मनशाक
जिवीत
दिवंक
शकतालो.

हो चमत्कार पळेल्ल्या जायत्या लोकांनी जेजूचेर विस्वास दवरलो. पूण हेर कांय जाणांनी ताच्या दुस्मानाक – देवळाच्या फुडाऱ्यांक – ताची म्हायती दिली. दुस्वासान तांणी जेजूक मारपाची कट रचली. जेजूक हें कळ्ळें तेन्ना तो थोड्या वेळा खातीर पयस गेलो.



# जेजू आनी लाजार

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

जुांव ११

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16